# गोंयांक गुंतवणुकी खातीर पसंदीचे राज्य करचेः मुख्यमंत्री

ता. 7 ऑक्टोबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गुंतवणूकदारांक गोंयांत गुंतवणूक करपाचे आवाहन करून गोंयांत उद्देगांखातीर आवश्यक लॉजिस्टिक सुविधां उपलब्ध आशिल्ल्याचे सांगलें. गोंय चेंबर ऑफ कॉमर्स एण्ड इंडस्ट्रीज (GCCI) आनी गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळान गुंतवणूकदारांक तांचे उद्देग-वेवसाय उभारपाखातीर सहकार्य करून गोंय हे गुंतवणूकदारां खातीर पसंदीचे स्थळ करपाक सांगलें. गोंय रस्ते, रेल्वे आनी विमान मार्गान जोडिल्ले आसा, अशें तांणी सांगलें.

मुख्यमंत्री आयज इन्व्हेस्ट-गोवा 2022 समिटचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले. गोंयांत पर्यावरणपूरक उद्देगांक प्राधान्य दितले, अशें सांगून तांणी नव भारत मिशन यशस्वी करपाखातीर तांणी गुंतवणूकदारांक गोंयच्या उद्देगीक विकासात भागीदार जावपाचे आवाहन केले.

उद्देगमंत्री श्री माविन गुदिन्हो हांणी गोंयांत उद्देगीक वाढीखातीर आवश्यक पायाभूत सुविधा आशिल्ल्याचे सांगून गुंतवणूकदारांनी गोंयात गुंतवणूक करपाक फुडें येवपाचे आवाहन केले.

आदले केंद्रीय रेल्वे मंत्री आनी प्रमुख वक्ते श्री सुरेश प्रभू हांणी गोंयचे उद्देगीक धोरण गुंतवणूकदारांक अनुकूल आशिल्ल्याचे सांगून गुंतवणुकीखातीर योग्य स्थळ आशिल्ल्याचे म्हणलें. गोंयांच स्टार्टअप उद्देगांखातीरय बरो वाव आशिल्ल्याचे तांणी म्हणलें.

माहिती आनी तंत्रज्ञान मंत्री श्री रोहन खवंटे हांणी गोंयांक आयटी डेस्टिनेशन करपाक प्रयत्न चालू आशिल्ल्याचे सांगलें. आयटी धोरणांखाला स्टार्टअपाक प्रोत्साहन दिवपात येता. आयटी खातीर पायाभूत सुविधां निर्माण करपा वांगडाच पर्यटन वाडिखातीरय प्रयत्न चालू आसात, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार तरुण उद्देजक कु. निकोल फारिया हांचो मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं सत्कार केलो.

आमदार रेजिनाल्ड लॉरेन्स, वित्त प्रधान सचिव डॉ. व्ही. कोंडावेलू, गुजरात चेंबर ऑफ चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष श्री प्रतीक पटवारी, महाराष्ट्र चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्रीज, श्री ललित गांधी, उद्देगीक क्षेत्रातले भागधारक ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/620

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji